# संविधानीक जागृतीचेर खास कार्यक्रम

# भारतीय संविधान हे सर्वोच्च कायदो

ता. 18 जानेवारी 2018
28 पौष 1939

भारतीय संविधान हे सर्वोच्च कायदो आसून संविधानात मुळावी राजकीय तत्वां, सरकारचे हक्क, कर्तव्या आनी हेर जबाबदा-याची तजवीज आसा. तशेंच नागरीकांचे न्याय, हक्क, अधिकार आनी कर्तव्याचीय तजवीज आसा. संविधानातल्या हया तत्वां, हक्क, न्याय, अधिकार आनी कर्तव्या हयाविशी जागृती करपाखातीर 19 ते 25 जानेवारीमेरेन सबंद राज्यात संविधान जागृती सप्तक कार्यक्रमाचे आयोजन केला.  फाल्या 19 जानेवारीक गोंय विद्यापीठात हया कार्यक्रमाचो शुभारंभ जातलो.

राज्यपाल आनी गोंय विद्यापीठाची कुलगूरू डॉ. श्रीमती मृदुला सिन्हा हांणी 69 व्या प्रजासत्ताक दिसाचो योग सादून सबंद गोंय राज्यात संविधानीक जागृताय कार्यक्रम आयोजित केला. भारतीय लोकशायेची मार्गदर्शक भावना, सामान्य लोकांच्या हक्कांची राखण आनी नागरीकांक तांच्या कर्तव्याबाबतीत मार्गदर्शक म्हुण संविधानाचे म्हत्व लक्षात घेवन लोकांच्या दिसपट्टे जीणेत संविधान म्हळ्यार कित्ये हाची ह्या कार्यक्रमातल्यान सामान्य लोकांक जाणीव करून दिवपाक येतली. भारत देशाच्या व्हड लोकसंख्येन खास करून तरणाट्यांनी संवसारातल्या व्हड लोकशायेचे नागरीक म्हूण अभिमान बाळगूपाक जाय.

'आमी आनी संविधान' ह्या संकल्पनेखाला सामान्य मनशाक संविधानाचे म्हत्व पटोवन दिवपी राज्यात जिल्हा, तालुका, पंचायत, शाळा आनी महाविद्यालयांनी संविधान विशयाचेर तंज्ञांची व्याख्यांना, कायदो विद्यार्थ्यांचो संविधानीक साक्षरता कार्यक्रम, चर्चासत्र, प्रस्नमंजूषा, ऑडिओ व्हिज्यूएल्स आनी प्रिंट जागृती मोहिम आयोजित करतले.

हो प्रकल्प उच्च शिक्षण संचालनालय, शिक्षण संचालनालय, पंचायत नगरपालिका प्रशासन, म्हायती आनी प्रसिध्दी, कायदो, गोंय विद्यापीठाचो राजकीय शास्त्र विभाग, व्ही. एम. साळगावकर कायदो महाविद्यालय मिरामार आनी कारे कायदो महाविद्यालय मडगांव हांच्या जोड समन्वयान आनी राज्य सरकाराच्या हेर यंत्रणाच्या जोड पालवान राबयतले. ह्या प्रकल्पाचो 25 जानेवारी 2018 दिसा समारोप जातलो. ह्या सबंद प्रकल्पाचो म्हायतीपट तयार करून सबंद देशाखातीर एक आदर्श कार्यक्रम म्हूण हेर राज्यां आनी संघप्रदेशामूखार मांडतले. राज्यपाल आनी गोंय विद्यापीठाची कुलगुरू डॉ. श्रीमती मृदुला सिन्हा हांणी 69 व्या प्रजासत्ताक दिसाचो योग सादून सबंद गोंय राज्यात या संविधानीक जागृताय कार्यक्रम आयोजित केला. भारतीय लोकशायेची मार्गदर्शक भावना, सामान्य लोकांच्या हक्कांची राखण आनी नागरीकांक तांच्या कर्तव्याबाबतीत मार्गदर्शक म्हुण संविधानाचे म्हत्व लक्षात घेवन लोकांच्या दिसपट्टे जीणेत संविधान म्हळ्यार कित्ये हाची ह्या कार्यक्रमातल्यान सामान्य लोकांक जाणीव करून दिवपाक

येतली. भारत देशाच्या व्हड लोकसंख्येन खास करून तरणाट्यांनी संवसारातल्या व्हड लोकशायेचे नागरीक म्हूण अभिमान बाळगूपाक जाय. गोंयच्या सगळया लोकांनी या कार्यक्रमात सहभागी जावन कार्यक्रम यशस्वी करपाक सहकार्य करचे अशें आवाहन राज्यपाल डॉ. मृदुला सिन्हा हांणी केला.